भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# पेद्रू आनी मागणें करपाची शकती



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

प्रेषित पेद्रू जेजू विशीं हेरांक सांगपाक देशभर भोंवलो.

एक दीस लिड्डा नांवाच्या शारांत ताका आठ वर्सां खाटीर, पक्षाघात जाल्लो मनीस मेळ्ळो. “जेजू क्रिस्त तुमकां बरे करता” अशें पेद्रून म्हणटले. “उठून तुजी खाट तयार कर.” तो मनीस रोखडोच उठलो. हें पळोवन लोक प्रभू कडेन वळले.





लागसारच्या जोप्पा शारांत लोक दुख्खी जाले, दोर्कास नांवाची एक क्रिस्तांव बायल आतांच मेल्ली. दुख्खान तिच्या इश्टांनी तिची कूड पुरपा खातीर तयार केली, मागीर तिका वयल्या कुडींत दवरली आनी थंय एकठांय शोक केलो.



पूण दोर्कासाच्या इश्टांक कळ्ळें की पेद्रू त्या वाठारांत आसा. तांणी पेद्रूक रोखडेंच जोप्पाक येवंक आपयलो. तो त्या वयल्या कुडींत पावलो तेन्ना विधवांनी ताका दोर्कासान तांचे खातीर तयार केल्ले कपडे दाखयले. सगळे रडटाले.

पूण पेद्रून तांकां सगळ्यांक भायर काडलो आनी येवन मागणें केलें. आनी कुडी कडेन वळून ताणें म्हणलें, “दोर्कास, उठ.” तिणें दोळे उगडले आनी पेद्रूक पळेवन ती उठून बसली.





मागीर ताणें हात
दिवन तिका
उखलली; आनी
संतांक (क्रिस्तांवांक)
आनी विधवांक
आपयतकच तिका
जिवी सादर केली.
सगळया जोप्पांत तें
कळ्ळें आनी जायत्या
जाणांनीं सर्वेस्पराचेर
विस्वास दवरलो.

पेद्रू जोप्पांत, दर्या कुशीक आशिल्ल्या एका घरांत बरोच वेळ रावलो. एक दीस पेद्रू मागणें करुंक घराच्या माथ्यार वयर सरलो.



ताणें शाराच्या वण्टींचेर पळयल्लें जाल्यार ताका सोदपाक तीन प्रवासी आयिल्ले दिसताले.

हे मनीस कॉर्नेलियस नांवाच्या रोमन सैनिकाचे सेवक आशिल्ले आनी तो देवाची उपासना करतालो. कॉर्नेलियुसान आपल्या नोकरांक पेद्रूक सोदपाक धाडले कारण एका देवदूतान ताका दर्शनांत सांगलें, “पेद्रूक आपोवंक धाड. तो तो सायमन, चर्मकार, जाचें घर दर्या देगेर आसा, ताचे कडेन रावता. तुवें कितें करचें तें तो सांगतलो.”



पेद्रू घराच्या माथ्यार मागणें करताना देवान ताका एक दर्शन दिलें. धर्तरेचेर देंवपी व्हडलें पत्रें अशें दिसतालें. पत्र्याचेर जनावरां आनी सुकणीं आशिल्लीं. हे “अशुध्द” आसात हें पेद्रूक कळलें. ताचो अर्थ धर्मीक ज्यू लोकांक तीं खावंक मेळनाशिल्लीं. अचकीत ताका आवाज आयलो. “उठ, पेद्रू, मार आनी खा.”



“अशें न्हय, प्रभू!” पेद्रून देवाक सांगलें. “कारण हांवें केन्नाच सामान्य वा अशुध्द कितेंय खाल्लें ना.” एक आवाज ताचे कडेन दुसरे खेपे उलयलो. “देवान जें शुध्द केलां तें तुमी सामान्य म्हणूंक फावना.” हें तीन फावटीं जालें. आनी मागीर चादर परतून सर्गार व्हेले.



पेद्रूक दर्शन कितें तें समजलें ना. विचार करताना देवान ताका सांगलें की तीन मनीस ताका सोदतात आनी ताणें तांचे वांगडा वचचें. जेन्नां तिगांयनी पेद्रूक सांगलें की एक पवित्र देवदूत कॉर्नेलियोक ताका आपोवंक धाडलो, तेन्नां पेद्रूक कळळें की देव ताका फुडाकार दिता. दुसऱ्या दिसा तो स इश्टां सयत



कॉर्नेलियोच्या घरा गेलो.



घडये, एक ज्यू न्हय
मनशाच्या घरा वताना,
पेद्रू समजूंक लागलो की
देव सगळ्या लोकांचो
मोग करता – जेजू
संवसाराचो सोडवणदार
सगळ्या राष्ट्रांक कळपाक
जाय. पेद्रू पावलो तेन्ना
कर्नेलियुस ताचे मुखार
उपासना करपाक पडलो.

“उबो राव. हांवूय एक मनीस” पेद्रू कॉर्नेलियसाक सांगलें. मागीर ताणें घरांतल्या सगळ्या लोकांक म्हणलें, “ज्यू मनशान दुसऱ्या राश्ट्रांतल्या मनशा वांगडा रावप वा ताचे कडेन वचप कितलें बेकायदेशीर आसा तें तुमकां खबर आसा.”

“पूण देवान म्हाका दाखयलां की हांवे खंयच्याच मनशाक



सामान्य वा अशुध्द म्हणूंक फावना.”

पेद्रू ह्या विदेशी लोकांक (ज्यू न्हय लोकांक) सांगलें की जेजू हो देवाचो पूत जो खुर्सार मेलो आनी संवसाराचो सोडवणदार जावंक जिवंत जालो. मागीर पवित्र आत्मो सगळ्यांचेर पडलो आनी ते देवाची स्तुती करपाक लागले. पेद्रूचे स ज्यू इश्ट अजापीत जाले. तो पेंटेकोस्ट सारको आशिल्लो. पवित्र आत्म्याचें दान विदेशी लोकांचेरूय ओतपाक लागलें. मागीर पेद्रून नव्या भावार्थी लोकांक जेजूचेर पवित्र स्नान दिलो.



जेरुसलेमांत किरिस्तांवांनी पेद्रूक विदेशी लोकांक भेट दिल्ल्यान धिटाय दिली. ताका लागून पेद्रू तांकां आपूण आनी कर्नेलियुसाक मागणें करतना मेळिल्ल्या दर्शनां विशीं सांगलें. हीं गजाली आयकून जेरुसलेमाचे क्रिस्तांव ओगी रावले. आनी तांणी देवाचो महिमा केली, ताणें मागणें करून क्रिस्तांव सभेक दाखयल्लें की देवाचो मोग
सगळ्यां खातीर आसा.



पेद्रू आनी मागणें करपाची शकती

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

प्रेषितांचीं कृत्यां ९-१२

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि
हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16